**<u>संवसारीक एड्स दिसा राज्यपालांचो कार्यक्रम</u>**

ता. 30 नोव्हेंबर 2021

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई फाल्या ता. 1 डिसेंबर 2021 दिसा सकाळी 9.30 वरांचेर बार्देस म्हालातल्या पालये-उसकय हांगाच्या मार्गारेट बॉस्को बाल संस्थेक भेट दिवन संस्थेक आनी बार्देस म्हालातल्या 14 डायलिसीस उपचार घेवपी दुयेंतीक अर्थीक मदत भेटयतले. तशेंच ते संस्थेतल्या भुग्यांकडेन संवाद सादतले. ह्या वेळार हळदोणाचे आमदार श्री. ग्लेन टिकलो उपस्थित आसतले.

तशेंच उपरांत राज्यपाल राजभवनार संवसारीक एड्स दिसानिमतान गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संस्था आनी विद्या प्रबोधिनी महाविद्यालयाच्या रेड रिबन क्लबाच्या सहकार्यान आयोजीत कार्यक्रमात गोंय विद्यापिठाकडेन जोडिल्ल्या म्हाविद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यांक एड्स जागृतायेविशीं ऑनलायन सोपूत दितले.

तशेंच ह्युमन टच फाऊंडेशनाच्या समन्वयान 40 एचआयव्ही भुरगीं राजभवनार भेट दितली. ही भुरगीं राजभवनार दनपरांचे जेवण करून राजभवन वांठाराचे दर्शन घेतली.

फाल्या राज्यपालांचो वाडदीस आशिल्ल्यान तांचे खातीर हो खास दीस आसा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1002

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji